**आलेक्स सिक्वेरा हांणी मडगांवां राष्ट्रीय ध्वज उबयलो**

पणजीः 19 डिसेंबर 2023

आयज मडगांवच्या दक्षीण गोंय जिल्लोधिकारी कार्यालयांत कायदो आनी न्यायवेवस्था मंत्री श्री. आलेक्स सिक्वेरा हांणी गोंय मुक्ती दिसा निमतान राष्ट्रध्वज उबयलो.

श्री. सिक्वेरा हांणी आपल्या उलोवपांत म्हणलें की 2014 वर्सा सावन गोंयांत साधनसुविधा, भलायकी आनी समाजीक मळार व्हड उदरगत जाल्या.

प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला गोंय वेवस्थीत उदरगत आनी समृध्दी कडेन वाटचाल करता अशें तांणें सांगलें. तशेंच मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत राज्याची वाड आनी सुदारणे खातीर अथक यत्न करीत आसात. डॉ. सावंत सरकारान मेळयल्ली मुळावी उदरगत खऱ्यानीच उल्लेखनीय आनी तोखणाय करपा सारकी आसा अशें तांणें म्हणलें.

लोकांक कसलोच त्रास जायनासतना लाव घेवपाक मेळचो हे खातीर राज्य सरकारान चडश्यो सरकारी येवजण्यो आनी सेवा ऑनलायन पद्दतीन उपलब्ध करून दिल्यात असो उल्लेख श्री. सिक्वेरा हांणी केलो.

ताणें फुडें सांगलें की, विद्यार्थी हो देशाचो फुडार. ताका लागून तांणें मनीसपणाचीं बरी मुल्यां रुजोवपाची गरज आसा. निव्वळ समर्पण आनी चिकाटी विद्यार्थी समाजाक आपल्या वेंचिल्ल्या कारकिर्दींतलीं उद्दिश्टां साध्य करपाक चड बळिश्ट करतली.

ह्या वेळार दक्षीण गोंयांच्या वेगवेगळ्या शिक्षणीक संस्थांतल्या विद्यार्थी गटान मार्च पास्ट आनी सांस्कृतीक कार्यावळींत वांटो घेतिल्लो. तातूंत कुंकळ्ळीची अवर लेडी ऑफ हेल्थ हायस्कुलाक पयलें इनाम, काणकोणचें जवाहर नेहरू विद्यालयाक दुसरें आनी फोंडेंचें आल्मेदा हायस्कूलाक तिसरें इनाम फावो जालें.

सांस्कृतीक कार्यावळींत काणकोणच्या श्रद्धानंद विद्यालयाक पयलें, रवींद्र केळेकार ज्ञानमंदीराक दुसरें आनी दामोदर इंग्लीश हायस्कूल, मडगांव हांकां तिसरें इनाम फावो जालें.

ह्या वेळार मतदारांची जागृताय आनी म्हत्व आनी मतदानाचो हक्क हांचेर पथनाट्य सादर केलें.

नावेलींचे आमदार श्री. उल्हास तुयेंकार, कुडतरीचे आमदार श्री. आलेक्स रेजिनाल्ड लॉरेंसो, आदले खासदार श्री. विनय तेंडुलकार, दक्षीण गोंयचे जिल्लोधिकारी श्री. अश्विन चंद्रू, आयएएस, सुटके झुजारी, वरिश्ठ सरकारी अधिकारी आनी हेर हाजीर आशिल्ले.

**डीआयपी/एनबी/पीएन/एसएफ/**2023/2136

Issued by the Department of Information & Publicity
Department of Information & Publicity,
Government of Goa, Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan, Panaji – Goa.